Date : 10/03/2026 6.30 PM

75

मध्य उदेंतांतली परिस्थिती पळोवन पेट्रोलियम उत्पादना आनी सैमीक वायूची नेमान उपलब्धताय, स्थिर पुरवण आनी समतोल वितरण सुनिश्चीत करपाहेतन केंद्र सरकारान आपत्कालीन वस्तू कायदो, 1955 खाला आपत्कालीन अधिकारांचो उपेग केला. पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान जारी केल्ले अधिसुचोवणे प्रमाण घरगुती पाइपलाइन सैमीक वायू पुरवण, येरादारी खातीर सीएनजी, एलपीजी उत्पादन, पाइपलाइन कॉम्प्रेसर इंधन आनी सैमीक वायूची पुरवण करपाक हेर क्षेत्रांक प्राधान्य दिलां. देशाची उर्जा सुरक्षा राखपाखातीर सरकारान फावो ते उपाय केल्यात अशें भाजपा खासदार तेजस्वी सूर्य हांणी सांगलां. Bytes२४ sec .

२५

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां तमिळनाडूच्या तिरुचिरापल्लीत सुमार ₹5 हजार ,650 कोटी मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी काय प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर बसयतले.उपरांत ते एनडीएचे रॅलीक मार्गदर्शन करतले .

50

केंद्रीय वित्तमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी आयज नवी दिल्लींत नव्या विकास बँकेची अध्यक्ष दिलमा रूसेफ हांची भेट घेतली. हे बसकेंत दोनूय वटांनी खाजगी भांडवल एकठांय करपा खातीर भारताच्या खाजगी क्षेत्र आनी एनडीबी हांचे मदीं सहकार्य वाडोवपा विशीं चर्चा केली आनी बँकेची वाड आनी स्पर्धात्मकता तिगोवन दवरपाच्या गरजेंचेर ताणी भर दिलो.

केंद्रीय मंत्रीमंडळान जल जीवन अभियानाचो काळ डिसेंबर 2028 मेरेन वाडोवपाक मान्यताय दिल्या. माहिती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक हि म्हायती दिली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ले मंत्रीमंडळ बसकेंत जल शक्ति मंत्रालयाच्या प्रस्तावाक मान्यताय मेळ्ळी अशें तांणी सांगलें.

आतां मेरेन 87.3 कोटी बायलांची गर्भाशयाच्या कॅन्सराची तपासणी जाल्या अशें सरकारान सांगलां. ही म्हायती भलायकी आनी कुटुंब कल्याण राज्यमंत्री प्रतापराव जाधव हांणी आयज

राज्यसभेंत दिल्या. कॅन्सरा आड झुजपा खातीर 14 वर्सां मेरेनच्या चलयां खातीर देशभरांत सरकारी केंद्रांनी एचपीव्ही लस दिवपाची मोहीम सुरू आसा. आयुष्मान आरोग्य मंदिर, मुळावी आनी सामुदायिक भलायकी केंद्र, जिल्लो हॉस्पिटल आनी सरकारी वैजकी म्हाविद्यालय आनी हॉस्पिटलांनी ही मोहीम चालीक लायल्या अशें ताणी मुखार सांगलें.

50

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी आयज नवी दिल्लींत आहार आंतरराष्ट्रीय अन्न आनी आदरातिथ्य टी मेळाव्याच्या 40व्या आवृत्तीचें उक्तावण केलें. अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालय आनी भारतीय वाणिज्य आनी उद्देग मंडळाच्या जोड्पाल्वान हो मेळावो घडोवन हाडटा. हेवरवी भारताक मुक्त वेपार कबलातीतल्यान मेळपी संदिचो लाव जातलो असो विस्वास ताणी उक्तायलो. Bytes२४ sec

५५

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला सरकारान मुखेल वखदां घटकांच्या आयातीचेर आदारून रावप उणें करपाखातीर आनी देशी उत्पादन घटमूट करपाखातीर म्हत्वाचीं पावलां उबारल्यांत अशें केंद्रीय भलायकी मंत्री जे.पी. नड्डा हाणी म्हणला. फाटल्या चार वर्सांत 33 वखदां संबंदीत 48 प्रकल्पांक मान्यताय मेळ्ळ्या. आदीं व्हड प्रमाणांत आयात जावपी वखदां आतां देशांत तयार जावपाक लागल्यात आनी निर्गतूय सुरू जाल्या अशें तांणी सांगलें.

50

सर्वोच्च न्यायालयान मतदार वळेरेंत चालू आशिल्ल्या खाशेली सघन सुदारणा म्हळार एसआयआरत वांटो घेवपी न्यायालयीन अधिकाऱ्यांक पुराय सहकार्य दिवपाचे निर्देश वेंचणूक आयोगाक आनी अस्तंत बंगाल सरकाराक दिल्यात. तशेंच एसआयआर प्रक्रियेंतल्या न्यायालयीन अधिकाऱ्यांच्या निर्णया आड अपील आयकुपा खातीर अपील संस्था स्थापन करपा खातीर अधिसुचोवणी जारी करपाचो निर्देश खंडपिठान वेंचणूक आयोगाक दिला.

हवामान३०

भारतीय हवामान खात्यान आयज जम्मू, काश्मीर, लद्दाख आनी मुझफ्फराबादेत व्हड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला .तशेच गुजरात, कोंकण, गोंय, विदर्भा आनी राजस्थानांत उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास आसा जाल्यार मध्य महाराष्ट्र आनी मराठवाड्यांत उश्ण आनी दमट हवामान उरतलें अशे खात्यान सांगला.

खेळ ३५

आयसीसी टी-20 विश्वचषक जिखपी भारतीय पंगडाक भारतीय  क्रिकेट नियंत्रण मंडळान 131 कोटी रुपया रोख इनाम दिवपाची घोशणा केल्या.

न्यूझीलंडांत जाल्ल्या ‘फुल आयरनमन न्यूझीलंड’ ट्रायथलॉनांत सर्तीत भारताचे अनंत राणा हाणी 11 वरां आनी 50 मिनटांत सर्त पुराय करून इतिहास घडयलो .

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे फुडले तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर  -